Panaji

National News

6th February 2026 8.40am

- भारत संवसारीक पांवड्यार सर्त करपाक पुरायपणान सज्ज आसा असो विस्वास प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उक्तायला.
- संसदेच्या दोनूय सभाघरांनी राष्ट्रपतीच्या अभिभाशनाचेर आभार प्रस्ताव आवाजी मतदानान संमत केलो.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 10 वरांचेर परीक्षा पे चर्चाचे णवव्या आवृत्तींत देशभरांतल्या विद्यार्थ्यां कडेन संवाद सादतले.
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आज जम्मूत शिम सुरक्षेचो नियाळ घेतले.
- भारतीय रिझर्व्ह बँक (आरबीआय) आपलो द्विमासिक चलन धोरण नियाळ जाहीर करतली.
- क्रिकेटांत आयज झिंबाब्वेत  जावपी 19 वर्सां सकयल्या वनडे क्रिकेट विश्वचषकाच्या फायनलींत भारत इंग्लंडा आड खेळतलों.

भारत संवसारीक पांवड्यार सर्त करपाक पुरायपणान सज्ज आसा आनी आत्मविस्वास आनी निर्णायक धोरणात्मक सुदारणां संयत तिसरी व्हडली अर्थवेवस्था जावपाचे दिकेन वाटचाल करता असो विस्वास प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उक्तायला. सरकार Reform, Perform आणि Transform या दृष्टीकोना बरोबर मुखार वता आनी देश Reform एक्सप्रेसांत चडला अशें तांणी सांगलें. राज्यसभेंत राष्ट्रपतीच्या अभिभाषणाचेर उपकार प्रस्तावाचेर जाल्ले चर्चेक ते जाप दिताले.

युरोपियन युनियन आनी अमेरिका सयत जायत्या देशां कडेन केल्ल्या वेपार कबलाती विशीं प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें की भारतान आतां मेरेन 9 देशां कडेन वेपार कबलाती अंतिम केल्यात आनी हालींच युरोपियन युनियनच्या 27 देशां कडेन 'मदर ऑफ ऑल डील्स' अशी इतिहासीक कबलात केल्या.

देशान आपल्या उद्देजकांक आदार दिवपी एक घटमूट उत्पादन ecosystem तयार केल्या अशे प्रधानमंत्र्यांनी सांगले. भारताकडेन तरुण कुशल मनुष्यबळ आशिल्ल्यान संवसार भारता कडेन आशेन पळयता अशे तांणी मुखार म्हळें. भारत साबार देशांखातीर एक विश्वासार्ह भागीदार म्हणून उदेला अशे तांणी नमूद केले.

हाचे आदीं विरोधकांक संसदेंत उलोवपाक दिनात असो आरोप विरोधी पक्ष फुडारी मल्लिकार्जुन खर्गे हांणी केलो.

प्रधानमंत्र्यान जाप दिले उपरांत राज्यसभेन राष्ट्रपतीच्या अभिभाशनाचेर आभार प्रस्ताव आवाजी मतदानान संमत केलो.

लोकसभेंत काल भारत-अमेरिका वेपार करारा सयत वेगवेगळ्या मुद्द्यांचेर विरोधकांनी केल्ल्या बोवाळाक लागून कामकाजात परत परत व्यत्यय आयले. सभाघरांत सुरु आशिल्ल्या बोवाळा मदीं राष्ट्रपतींच्या अभिभाषणावेलो आभार प्रस्ताव आवाजी मतदानान संमत जालो.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळीं 10 वरांचेर परीक्षा पे चर्चाचे णवव्या आवृत्तींत देशभरांतल्या विद्यार्थ्यां कडेन संवाद सादतले. परिक्षेच्या ताणाचेर चर्चा करप आनी परिक्षा हो उत्सव आनी जिणेचो एक अभिन्न भाग म्हूण मनोवप हो ह्या कार्यावळीचो हेत आसा. अंदु वर्सा देवमोग्रा, कोयंबतूर, रायपूर, गुवाहाटी आनी दिल्लीतल्या ७, लोक कल्याण मार्ग हांगा एक्झाम वॉरियर्स हांच्या बरोबर संवादात्मक सत्रां जातली. चार कोटी पन्नास लाखां परस चड विद्यार्थी, शिक्षक आनी पालकांनी MyGov पोर्टला वरवीं ह्या कार्यावळी खातीर नोंदणी केल्या अशें शिक्षण मंत्रालयान सांगलें.

प्रधानमंत्र्यांचे युट्युब चॅनल, दूरदर्शन आनी शिक्षण मंत्रालयाच्या सोशल मिडिया प्लॅटफॉर्माचेर ही कार्यावळ लाइवटेलीकास्ट जातली.तशेंच WAVES OTT, Amazon Prime Video, Jio, ZEE5, Sony LIV आनी Spotify ह्या सारक्या वेगवेगळया OTT प्लॅटफॉर्मांचेर ताचे थेट प्रसारण जातले.

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आज जम्मूत शिम सुरक्षेचो नियाळ घेतले आनी केंद्रशासित प्रदेशांतल्या सुरक्षा परिस्थितीचेर उंचेल्या पांवड्यावेली बसका घेतले. शाह काल रातीं जम्मू-काश्मीराच्या दोन दिसांच्या भोंवडेर जम्मूत पावले. नायब राज्यपाल मनोज सिन्हा हाणी जम्मू विमानतळार गृहमंत्र्याक येवकार दिलो. ह्या भेटी वेळार शाह सुरक्षा एजन्सी आनी प्रशासकीय अधिकाऱ्यांक मेळून एकंदर कायदो आनी सुवेवस्था परिस्थितीचें मुल्यांकन करतले आनी तशेंच सुरु आशिल्ल्या उदरगतीच्या उपक्रमांच्या प्रगतीचो नियाळ घेतले.

रिझर्व्ह बँक आज आपलो द्विमासिक पत धोरणाच्या नियाळाचो निर्णय जाहीर करतली. गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांच्या फुडारपणा खालच्या स वंगड्यांच्या पतधोरण समितीन बुधवारा भारतीय अर्थवेवस्था, चलनवाड, आनी हेर अर्थीक घटकां विशीं चर्चा सुरू केली. 2025-2026 वित्तीय वर्सा खातीर हो निमाणो धोरण नियाळ आसतलो. भारतीय रिझर्व्ह बँकेन फाटल्या फेब्रुवारीं सावन रेपो दरात १२५ बेसिस पॉइंट्सची कपात केल्या. भारतीय स्टेट बँकेच्या म्हणण्या प्रमाण रेपो दरांत कसलोच बदल जावपाची शक्यताय ना.

केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाहा हाणी काल नवी दिल्लींत भारतांतली पयली सहकार आदारीत रायड-हेलिंग प्लॅटफॉर्म भारत टॅक्सीची औपचारीक सुरवात केली. भारत टॅक्सी हो देशांतलो पयलो सहकार आदारीत रायड-हेलिंग प्लॅटफॉर्म. बहुराज्य सहकार संस्था कायदो, 2002 खाला नोंद जाल्ली भारत टॅक्सी शून्य कमिशन आनी सर्ज-फ्री मूल्य मॉडेलाचेर काम करता.हातूंत फायदे थेट वाहन चालकांक दितात. ह्या वेळार उलयतना शाह हांणी सांगलें की सरकार टॅक्सी सेवा क्षेत्रांत प्रवेश करीना,पूण सहकारी संस्था पावल घालता. सहकारी टॅक्सी सेवा चालकांक आदार दितली, तांचे उत्पन्न वाडतले, तांची भरभराट जातली अशें तांणी सांगलें. ड्रायव्हरांक मेळिल्ल्या भाड्याचेर भारत टॅक्सी कसलेच कमिशन घेवची ना अशें मंत्र्यांनी सांगलें.

केंद्र सरकार, नागालँड सरकार आनी उदेंत नागालँड पीपल्स ऑर्गनायझेशन हांणी फ्रंटियर नागालँड टेरिटोरियल अँथॉरिटी (एफएनटीए) स्थापन करपा खातीर कबलात केल्या. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांच्या हाजिरेंत काल नवी दिल्लींत कबलात जाली. ह्या वेळार नागालँडाचो मुख्यमंत्री नेफियो रिओय हाजीर आशिल्लो.

ह्या वेळार उलयतना शाहा हानी सांगलें, नागालँडाच्या लोकां खातीर हो एक म्हत्वाचो दीस.

भारतीय रेल्वेन अंदूं विक्रमी संख्येन होळी स्पेशल गाडयो चलोवपाची घोशणा केल्या. परबांच्या दिसांनी प्रवाशांक सुरळीत आनी त्रासमुक्त प्रवास सुनिश्चीत करपा खातीर हो निर्णय घेतला. प्रवाशांची वाडती मागणी पुराय करपा खातीर देशभरांत 1410 परस चड होळी स्पेशल गाडयो चलयतले आनी हो आंकडो 1500 मेरेन वाडपाचो अदमास आसा अशें रेल्वे मंत्रालयान सांगलां. मुखेल सुवातीं मदीं संपर्क सुदारपा खातीर ह्यो खाशेल्यो गाडयो मुखेलपणान मार्च म्हयन्यांत चलतल्यो.

आसाम, केरळ, पुडुचेरी, तमिळनाडू आनी अस्तंत बंगालांतल्या जावपा आशिल्ल्या विधानसभेचे वेंचणुके खातीर केंद्रीय निरिक्षक म्हणून नेमणूक जावपा आशिल्ल्या खातीर वेंचणूक आयोगान काल मार्गदर्शन बसका घडोवन हाडली. 714 सामान्य निरिक्षक, 233 पुलीस निरिक्षक आनी 497 खर्च निरिक्षक सयत चवदा श्या वयर अधिकाऱ्यांक ह्या मार्गदर्शन बसके खातीर आपयल्ले अशें आयोगान सांगलें.

जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंडांत आज पावस आनी बर्फ पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. उत्तराखंड, उत्तर प्रदेश, मध्य प्रदेश, आनी बिहारांत आज दाट धुकें पडपाची शक्यताय आसा अशें खात्यान सांगलां. फुडले दोन दीस हिमाचल प्रदेशांत अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.

आशियाई नेमबाजी चॅम्पियनशिपांत सुरुची सिंग आनी सम्राट राणा हांणी 10 मीटर एअर पिस्तूल मिक्स टीम सर्तींत रुप्या पदक जिखलें. कनिश्ट विभागांत रश्मिका सहगल हिणें बायलांच्या 10 मीटर एअर पिस्तूल सर्तींत भांगरा पदक जिखलें.

क्रिकेटांत आयज झिंबाब्वेच्या हरारे हांगा जावपी 19 वर्सां सकयल्या वनडे क्रिकेट विश्वचषकाच्या फायनलींत भारत इंग्लंडा आड खेळतलों. हि मॅच भारतीय वेळा प्रमाण दनपरा एकाक सुरू जातली. हरारे हांगा जाल्ले दुसरे सेमीफायनल मॅचींत भारतान अफगाणिस्तानाक सात विकेटींनी हारोवन फायनलींत प्रवेश केलो. बुलावायो हांगा जाल्ले पयले उपांत्य फेरयेंत इंग्लंडान डिफेंडिंग चॅम्पियन ऑस्ट्रेलियेक 27 धांवड्यांनी हारयललो.

रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून महिला प्रिमियर लीग खिताब जिखला. काल रातीं वडोदरात बीसीए स्टेडियमांत जाल्ल्या फायनलींत बेंगळुरून दिल्ली कॅपिटल्साक स विकेटींनी हारोवन आपले दुसरें खिताब जिखलें. स्मृति मंधानाक प्लेयर ऑफ द मैच आनी गुजरात जायंटसाचे ऑलराउंडर सोफी डिवाइनाक प्लेयर ऑफ द सीरीज खिताब फावो जालो.